Aakashwani 8.40 am National 19 January 2025

आयज सकाळीं 11 वरांचेर आकाशवाणीचेर जावपी ‘मन की बात’ कार्यावळींत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी देशांतल्या आनी विदेशांतल्या लोकां कडेन आपले विचार मांडटले . म्हयन्याळ्या रेडिओ कार्यावळीचो हो 118वो भाग .आकाशवाणी आनी दूरदर्शनाच्या पुराय नेटवर्काचेर, एअर न्यूज वेबसायटीचेर आनी न्यूजनेअर मोबायल ॲपाचेर हो कार्यक्रम प्रसारीत जातलो. तशेंच एअर न्यूज, डीडी न्यूज, पीएमओ आनी म्हायती आनी प्रसारण मंत्रालयाच्या युट्युब चॅनलांचेर ताचें थेट प्रसारण जातलें . आकाशवाणी हिंदी प्रसारणा उपरांत रोखडेच  प्रादेशिक भाशांनी ही कार्यावळ प्रसारीत करतली.

---

भारतीय पालवान बांदिल्ल्या जाफनाच्या प्रतिकात्मक सांस्कृतीक कैंद्राक तिरुवल्लूवर सांस्कृतीक कैंद्र अशें नांव दिवपाक प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी येवकार दिला. सोशल मिडिया पोस्टांत प्रधानमंत्री  मोदी हांणी , भारत आनी श्रीलंकेंतल्या लोकां मदल्या खोलायेन सांस्कृतीक, भाशीक, इतिहासीक आनी संस्कृतीक बंधनांचोय हो गवाय अशे सांगले .

---

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी ह्या म्हयन्याच्या 22 तारखेक दिल्ली विधानसभा वेंचणुके खातीर मेरा बूथ सबसे मजबूत  कार्यावळींत भारतीय जनता पक्षाच्या कार्यकर्त्यां वांगडा संवाद सादतले. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत प्रधानमंत्र्यांनी पक्षाच्या कार्यकर्त्यांक हे कार्यावळी खातीर आपले विचार मंडपाचे सांगला

---

केंद्रीय घरमंत्री आनी सहकार मंत्री अमित शाह आयज विजयवाडा आंध्रप्रदेशांत एनडीआरएफच्या 20व्या स्थापणूक दीस उत्सवाक हाजीर रावपाचे आसात. ह्या निमतान घर मंत्री 200 कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या प्रकल्पांचें उक्तावण आनी बुन्यादि फातर बसयतले. राष्ट्रीय  आपत्ती वेवस्थापन  संस्था दक्षिण संकुल , एनडीआरएफचे 10वे बटालियनाचे कॅम्पस आनी सुपौलांतल्या प्रादेशिक

प्रतिसाद केंद्राच्या संकुलातल्यान आयज तीन म्हत्वाच्या केंद्रांच्या संकुलांचे उक्तावण जातलें.तशेंच मंत्री शाह हैदराबादांतल्या राष्ट्रीय  पुलिस अकादेमींत नव्या इंटीग्रेटेड इनडोर शूटिंग रेंजाची बुन्याद घालतले जंय आयपीएस परिक्षा अधिकाऱ्यांक कुशळटायेचें प्रशिक्षण दितले. हे भेटी वेळार घरमंत्री तिरुपतींतल्या राज्य सरकाराच्या प्रादेशिक न्यायालयीन विज्ञान प्रयोगशाळेच्या इमारतीचेंय उक्तावण करतले.

---

भारतीय गतिशीलताय  उद्देग 2030 मेरेन दुपेटीन वाडटलो आनी 600 अब्ज अमेरिकन डॉलर वयर वतलो अशें गूगल आनी बोस्टन कन्सल्टिंग ग्रुपाच्या अहवालांत म्हणलां. थिंक मोबिलिटी अहवाला प्रमाण, इलेक्ट्रीक, आनी कनॅक्टेड मोबिलिटी सारकिल्या उदयाक येवपी महसूल संचांनी 2030 मेरेन वट्ट बाजारांत 100 अब्ज अमेरिकन डॉलर योगदान दिवपाची तयारी आसा, जाल्यार भोवसंख्य येणावळ  घटकांचो आस्पाव आशिल्ल्या क्लासिक महसूल संचांतल्यान मेळटली, नव्या आयसीई वाहनांची विक्री, अर्थीक आनी विमो आदी अहवालांत म्हणलां की सुमार 51 प्रति अभ्यासांतल्या टक्के प्रतिसाद दिवप्यांनी इलेक्ट्रीक वाहनां चार्जिंग मुळावी बांदावळ उपलब्ध नाशिल्ल्यान, 45 टक्के चड वाहनांचो खर्च, 31 टक्के बॅटरी आयुश्या विशीं आनी 20 टक्के चार चाकी (4W) इलेक्ट्रीक वाहनां खातीर वेगवेगळ्या मॉडेलांचेर हुस्को उक्तायला. अहवाला प्रमाण आतां इलेक्ट्रीक वेहिकल (ईव्ही) जाग्यार 52 टक्के निर्णय घेवपाचेर बायलांचो प्रभाव पडटा, जो अंतर्गत जळण इंजिन  वाहनां खातीर 38 टक्क्यां परस चड आसा. तशेंच भारतांत इन्फोटेनमेंट, पार्किंग मदत, चोरी विरोधी खाशेलपणां सारकिल्या खाशेलपणां खातीर सुमार 80 टक्के मागणी चड आसा, जाल्यार रिमोट कंट्रोल सारकिल्या संवसारीक लोकप्रिय आशिल्ल्या जोडिल्ल्या खाशेलपणांची मागणी तुळेन उणी उरल्या अशेंय अहवालांत म्हणलां. बाजारपेठेची उदरगत जातना, उच्च तंत्रज्ञानाचे उपाय वैयक्तीक अभिव्यक्ती खातीर साधनां म्हणून पळोवचे, जे वेगवेगळ्या गिरायक विभागांच्या विविधक पाळो दिवपा खातीर तयार केल्ले आसात.

---

आयज पयल्या पांवड्यार  मुक्त जावपी 33 बंधकांचीं नांवां हमास कडल्यान येतकच इझ्राएलान गाझा युद्धविराम करार फुडें व्हरचो ना अशी मागणी इझ्राएलचे  प्रधानमंत्री बेंजामिन नेतन्याहून केल्या. युद्धविरामाची कबलात जावपाची आशिल्ल्या कांय वरां आदीं ही घडणूक घडल्या. तशेंच युद्धविराम कराराचें कसलेंच उल्लंघन इझ्राएल सोंसचो ना अशेंयप्रधानमंत्री  नेतन्याहून उक्तें केलां आनी हमासाक पुरायपणान जापसालदार धरलां.

---

संवसारीक बँकेन भारता खातीर 6.7 टक्क्यांनी वाड जावपाचो  अदमास काडला. संवसारीक बँकेच्या संवसारीक आर्थिक संभव  अहवालाच्या जानेवारी 2025 आवृत्तींत भारत फुडल्या दोन वित्तीय वर्सां खातीर सगळ्यांत नेटान वाडपी व्हड अर्थवेवस्थेचो दर्जो तिगोवन दवरून संवसारीक अर्थीक मळार वर्चस्व गाजोवपाचो आसा अशें सांगलां.देशांतल्या सेवा क्षेत्रांतली वाड घटमूट उरतली, जाल्यार उत्पादन वेवसाय घटमूट जातली अशें अहवालांत उक्तें केलां. तशेंच कामगार बाजारपेठ घटमूट, पतपुरवठ्याची वाड आनी चलनवाड उणी हाका लागून देशांतल्या खाजगी वापराक गती मेळपाची शक्यताय आसा.

---

प्रयागराजांत चालू आशिल्ल्या महाकुंभ मेला 2025 वर्सा भक्त आनी यात्रेकरुंची व्हड प्रमाणांत उपस्तीथी पळोवकी मेळटा. सात कोटी आनी ब्यात्तर लाखां वयर भक्त आनी यात्रेकरुंनी आतां मेरेन महाकुंभांत वांटो घेतला आनी त्रिवेणी संगमांत पवित्र बुडटी घेतल्या. संगमा भायर महाकुंभ मेलान उत्तर प्रदेशांतल्या पर्यटनाकय आकर्षून  घेतल्या. प्रयागराजांतल्या महाकुंभाक हाजीर रावल्या उपरांत आतां उत्तर प्रदेशांतल्या हेर तीर्थस्थळांनी देशभरांतल्यान आनी परदेशांतल्यान येवपी भक्त आनी पर्यटकांची गर्दी जाल्या.अयोध्या, वाराणसी, विंध्याचल श्रृंगवेर्पूर, चित्रकूट ह्या पवित्र सुवातींनी भोंवडेकारांची संख्या व्हड प्रमाणांत वाडल्या.ह्या सुवातींनी भक्त आनी यात्रेकरुंच्या भेटेक लागून थळाव्या

रोजगारांत म्हत्वाचें योगदान मेळ्ळां आनी प्रवास, आनी येरादारीच्या वेवसायांक चालना मेळ्ळया .

---

तेलंगणा सरकारान हैदराबादांत अत्याधुनीक डेटा सेंटर कॅम्पस स्थापन करपा खातीर एसटी टेलीमीडिया ग्लोबल डेटा सेंटर इंडिया वांगडा समन्वय पत्राचेर स्वाक्षरी केल्या. मुखेलमंत्री कार्यालयान ही म्हायती दिली. आयटी आनी उद्देग श्रीधर बाबू हांचे वांगडा मुखेलमंत्री रेवंत रेड्डी हांच्या फुडारपणा खाला राज्य सरकाराच्या शिश्टमंडळान कृत्तीम बुद्धिमत्ता तयार संकुलाखातीर 3 हजार 500 कोटी रुपयांची गुंतवणूक करपाची समाजिकयेच्या कबलातीचेर स्वाक्षरी केल्या. ह्या संकुलाची क्षमता 100 मेगावॅट मेरेन आसतली आनी ताका लागून हो भारतांतलो एक व्हडलो डेटा सेंटर प्रकल्प थारतलो. ह्या कबलातीचा उपरांत रेड्डी हांणी सांगलें की हैदराबाद बेगीनूच डेटा सेंटरांची राजधानी म्हणून उदेतले. आयटी आनी उद्देग मंत्रीन ह्या कराराक एक मार्गदर्शक फातर आनी तेलंगणाच्या घटमूट पर्यावरण यंत्रणेचो आनी प्रगतीशील धोरणांचो पुरावो अशें वर्णन केलां.ह्या भेटी वेळार मुखेलमंत्री सिंगापूरचो शाश्वतपण आनी पर्यावरण मंत्री आनी वेपार मंत्री ग्रेस फू है यीन हांचे कडेन मेळ्ळे आनी दोनूय वटांनी जायत्या वाठारांनी संभाव्य भागीदारी विशीं व्यापक चर्चा केली. तेलंगणा शिश्टमंडळान शार नियोजन आनी मुळावी बांदावळ, उदक वेवस्थापन, कुशळटाय उदरगत, खेळ, अर्दवायू, उत्पादन, आनी पर्यावरण आनी तंत्रज्ञान ह्या सारक्या क्षेत्रांनी राज्यांतल्या गुंतवणूक संद दाखयली.

---

पंजाब, हरियाणा-चंडीगढ-दिल्ली, उत्तर प्रदेश आनी राजस्थान ह्या वाठारांनी आयज एकसुरे सुवातांनी दाट धुकें पडपाची शक्यताय आसा असो अदमास भारतीय हवामान खात्यान उक्तायला. फाल्यां मेरेन मध्य प्रदेश, उपहिमालय, अस्तंत बंगाल, सिक्किम, आसाम, मेघालय, नागालँड, मणिपूर, मिझोराम आनी त्रिपुरा हांगा ह्या म्हयन्याचे 21 मेरेन अशीच हवामानाची स्थिती आसतली. मध्य प्रदेशांतल्या

एकसुरे सुवातांनी थंड दिसाची परिस्थितीची शक्यताय आसा अशें हवामान खात्यान सांगलें.तशेंच हवामान खात्यान तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईकल, केरळ आनी माहेचेर एकसुरे सुवातेर पावस पडपाचो अदमास उक्तायला .

---

खो खो संवसारीक कारंडे सर्तींत भारतीय दादले आनी बायलां पंगडांनी सेमीफायनल मॅचींनी आपली प्रभावी कामगिरी दाखोवन फायनलींत आपली सुवात मेळयल्या.काल सांजवेळा नवी दिल्लींत जाल्ल्या खेळांत भारतीय दादल्यांच्या पंगडान दक्षिण आफ्रिकेक 62-42 अशी मात केली. भारतीय दादल्यांचो पंगड आतां फायनलींत नेपाळा आड जातलो.

---